

अध्याय 15

# आमच्या भुंयेचे नाच

आमी आमचो नाच प्रवास सुरू करूया! आपल्यो नाचपाच्यो घांटी घालपाची आनी नाचाच्या संवसारांत बुडी मारपाची तयारी करात!

## आमच्या भुंयेचे नाच: थळावे ताल आनी हालचालींचो सोद घेवप

हो अध्याय म्हळ्यार आमच्या देशाक रंगीत आनी जिवंत करपी व्हड नृत्यप्रकारांचो सोद घेवपा विशीं.

हो अध्याय म्हळ्यार आमच्या देशाक रंगीत आनी जिवंत करपी व्हड नृत्यप्रकारांचो सोद घेवपा विशीं.

ह्या कार्यांत तुमी तुमच्या वाठारांतले नाच सोदून काडटले. समृध्द पारंपारीक लोक नृत्यां सावन थळाव्या उत्सवांच्या उर्बेभरीत ताला मेरेन हे नाच आमच्या समाजांत खोल रुजल्यात.

तुमच्या वाठाराची भावना दाखोवपी नृत्यप्रकार सोदून काडपाची तयारी करात, आनी ताल आनी आनंदान नाचाची माळ जिवंत करची!

0680CH15

## कार्य 1: प्रादेशीक नाचांचो सोद

तुमच्या वाठारांतल्या वेगवेगळ्या प्रादेशीक नाचांच्या नांवांची वळेरी करात. ताची इश्ट, पालक आनी शिक्षकां कडेन चर्चा करची.

खंयचोय प्रादेशीक नाच वेंचून काडात आनी थळाव्या कलाकारांक भेट दिवपा खातीर अभ्यास भोंवडी घेयात. तांचे व्हिडियोय पळोवंक मेळटात.

शक्य आसल्यार तांचे वांगडा एक ल्हानशी कार्यशाळा घेवची, आनी थळाव्या नृत्यप्रकारा फाटले विचार आनी हेतू सोदून काडचे.

ताच्यो मुद्रा, हावभाव आनी आकर्शक हालचाली शिकपाचो यत्न करात.

अशे तरेन आपल्याच प्रादेशीक नृत्य प्रकारांचो एक रोमांचक प्रवास करूं येता.

सकारात्मक उर्जेचो गठ्ठो आशिल्ल्या नृत्यांतले भव्य घुंवती गती, सोबीत मोडण, भव्य हालचाली,

© NCERT not to be republished


*गुजरातांतलो गरभा नाच*


*तबलें*


*धोल*


*दांडिया खेळपाच्यो बडयो*

सोबीत पावलां, रंगीत वेशभूषा आनी ओलौकीक भावनांचें निरिक्षण करात.

देखीक-

अभ्यास भोंवडे वेळार नृत्यप्रकाराचीं निरिक्षणां नोंद करपाची पद्दत.

## गुजरातांतलो गरबा नाच

**A. प्रस्तावना**

नवरात्राच्या उत्सवा वेळार हो नृत्यप्रकार करतात आनी तातूंत दुर्गा मातेची पुजा करतात. हो नाच म्हळ्यार समुदाय भावनेच्या आनी एकचाराच्या प्रदर्शना वांगडाच संस्कृती आनी परंपरेचो उत्सव.

**B. नृत्याचीं खाशेलपणां**

- दोलायमान आनी उर्बेभरीत हालचाली.
- लयबध्द ताळ्यो.
- एकाग्र वर्तुळांत घुंवपी नर्तकांनी तयार केल्ले वर्तुळाकार नमुने.

**C. साथसंगत**

- पारंपारीक लोकसंगीत.
- धोल (ड्रम), तबला, दांडिया काडयो सारकीं वाद्यां.

**D. वेशभूषा**

- बायलां खातीर चनिया चोळी (घागरा).
- दादल्यां खातीर केदियु-कफनी (धोतर आनी कुर्ताचो एक प्रकार).

### हेर नृत्य प्रकारांचो सोद घेवप

हांगा तुमी आमच्या देशांतल्या हेर वाठारांतल्या थळाव्या नृत्यप्रकारांचो सोद घेवपाचे आसात.

ह्या नाचाच्या प्रवासांत एकूच थळावो नाच प्रकार शिकचे परस हेर नृत्यप्रकारांचोय सोद घेतले.

## कार्य 2: हेर नृत्य प्रकारांचो सोद

हेर प्रादेशीक नृत्यप्रकारांचे व्हिडियो पळयात.

येयात... एकठांय बसून हेर प्रदेशांतल्या नाचाविशीं फळादीक चर्चा करूया.

© NCERT not to be republished

| राज्यां | नाचाचें नांव | साथसंगत | वेशभूषा | नृत्याचो प्रसंग |
|---|---|---|---|---|
| केरळ | तिरुवथिरा काली: बायलांचें सादरीकरण | लोकगिता वांगडा ताळ्यां वांगडा सोबीत लयबद्ध नाच. | पारंपारीक केरळ अलंकार आशिल्ली, मुंडू आनी वेस्थीची सादी केरळ शैलीची वेशभूषा | तिवथिरा, शिवरात्री, ओणम आनी हेर कांय सणां निमतान |
| ओडिशा | सैला: आदिवासी समाजान सादर केल्लो. | धोल (बॅरलाच्या आकाराचो ड्रम), नगारा (केटली ड्रम) आनी पेपारें. | रंगीबिरंगी साड्यो आनी धोतर, आदिवासी अलंकारांचे मणी, शंख आनी धातूचे अलंकार. | शेतकी हंगामाचे सुरवेक चैत्र पर्व उत्सवा निमतान |
| काश्मीर | रौफ: बायलांचें सांघीक सागरीकरण | तुमबकनारी (एक ल्हान किटली ड्रम), रबाब (तार आशिल्लें वाद्य) आनी हार्मोनियम. | काश्मिरी पोशाख फेरान (सैल, लांब झगो) रंगीत भरतकाम केल्लो पोशाख, रत्नां: कानांतलीं, हार आनी कांकणां. | ईद, बैसाखी आनी नवरोज ह्या वेळार तशेंच लग्नां, कापणी उत्सव आनी हेर समाजीक मेळाव्यां वेळार सादर करतात. |

आमच्या देशांतल्या राज्यांची वळेरी तांच्या आपापल्या नृत्यप्रकारां सयत करची. कांय राज्यां हांगा चित्रण म्हूण दाखयल्यांत.

विंगड विंगड प्रदेशांतल्या वेगवेगळ्या नृत्यप्रकारांची म्हायती सारणीबद्ध स्वरुपांत मांडू येता. अप्रतिम! बरें केलें. आमी आमच्या नाच प्रवासाच्या फुडल्या पांवड्यार वचूया.

© NCERT not to be republished

**प्रादेशीक नृत्य प्रकारांची तुळा**

तुमच्या नाचाच्या प्रवासांत तुमकां जायते थळावे नाचाचे प्रकार मेळ्ळया आसतले. उंचेल्या पांवड्यार वचून तुमच्या वाठारांतल्या थळाव्या नृत्यप्रकारांची हेर प्रदेशां कडेन तुळा आनी तुलना करची.

| राज्यां | नाचाचें नांव | साथसंगत | वेशभूषा | नृत्याचो प्रसंग |
|---|---|---|---|---|
| | | | | |
| | | | | |
| | | | | |

© NCERT not to be republished

## कार्य 3: प्रादेशीक नृत्य प्रकारांची तुळा

समजा तुमी राजस्थानांतले आसात आनी थळावो कालबेलिया नृत्यप्रकार वेंचून काडचो. आतां हाची तुळा मेघालयांतल्या नोंगक्रेम नृत्य नांवाच्या आनीक एका थळाव्या नृत्या कडेन करात.

**सकयल दाखयल्ले प्रमाण तुलनात्मक तक्तो तयार करात —**

| नाच प्रकार | कालबेलिया | नोंगक्रेम |
|---|---|---|
| |  |  |
| **राज्य** | राजस्थान | मेघालय |
| **वेशभूशा** | बायलो वयल्या आंगार चोळी (अंगराखी), माथ्याक दुपट्टा (ओढणी) आनी शरिराच्या सकयल्या भागांक (लेहंगा) ल्हान आरशांनी भरतकाम केल्लें घालतात. | बायलो पारंपारीक भेस घालतात जाल्यार दादल्यांक चड करून तलवारी आनी धव्या याक केंसांक धरून दोलायमान रंगांनी सजयतात. |
| **हेतू** | कर्मकांडां कडेन संबंदीत, जायते फावट पौराणीक कथांचें चित्रण करपी. होळी वेळार खाशेले नाच करतात. | भरपूर पीक आनी लोकांची भरभराट जावची म्हूण बळिश्ट देवीक प्रसन्न करपा खातीर शरद ऋतूंत मनयतात. |
| **कलाकार** | बायलांचो नाच आनी दादल्यांचें गीत. | दादले आनी बायलो दोगूय. |
| **साथसंगत** | पारंपारीक लोकसंगीत आनी हवेचीं लाकडी वाद्यां देखीक पुंगी, तालवाद्यां दुफली, बीन आनी खांजिरा. | ड्रम आनी वाऱ्याचें वाद्य तंगमुरी सयत पारंपारीक संगीत. |

© NCERT not to be republished

| नाच प्रकार | | |
|---|---|---|
| राज्य | | |
| वेशभूशा | | |
| हेतू | | |
| कलाकार | | |
| साथसंगत | | |

© NCERT not to be republished

## कार्य 4: प्रादेशीक नृत्य प्रकारांचेर प्रकल्प

थळाव्या नाच प्रकारांचो अभ्यास करपा खातीर अभ्यास भोंवडी घेतिल्ली कृती 1 याद आसा?

संबंदीत चित्रां काडून वा चिकटावन थळाव्या नृत्यप्रकाराचेर प्रकल्प तयार करात. लोकगीत (नाचा कडेन संबंदीत) वेंचून काडून ताची नोंद घेयात. एका विशिश्ट नृत्यप्रकारांतल्या रत्नांचीं हातान तयार केल्लीं शिल्प प्रतिकृती चिकटायात.

निमाणें तुमचो प्रकल्प सगल्या शिक्षकां मुखार आनी इश्टां मुखार मांडात.



## कार्य 5: नामनेच्या नर्तकांचेर टिपो

तुमच्या आवडीच्या नामनेच्या आधुनीक भारतीय नर्तकांचेर एक संक्षिप्त टिपण बरयात. सर्जनशीलतायेन बरयात आनी चित्रां चिकटायात. हे कार्या वांगडा नामनेच्या नर्तकाच्या चाली, मुद्रा आनी हावभावांचें अनुकरण करपाचो यत्न करचो.

© NCERT not to be republished